पिकी पिकी काजुलें
कोंकणी विभाग
पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय
मडगांव गोंय

वर्स 17 अंक 01

जुलय 2024

उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले
आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.

# पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांक येवकार

"शिक्षण हो मनशाच्या जिवितांतलो म्हत्वाचो विशय. फुडाराक येस मेळपाची आनी आमच्या जिवितांत जायत्यो संदी मेळपाचो एक काळ. तशेंच शिक्षण मनशाक गिन्यान मेळोवपाक आनी जिणेचेर आत्मविस्वास वाडोवपाक आदार करता, जिणेंत योग्य निर्णय घेवपाक आदार करता". पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालय आनी कोंकणी विभागा वतीन पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांक मनांकाळजा सावन म्हजो येवकार. कोंकणी विभाग तशेंच पुराय महाविद्यालय तुमकां तुमची सृजनशिलताय, व्यक्तीमत्व, गिन्यानाचे भांडार उक्तावपाक तुमकां खूब संदी दितली. शिक्षणीक मार्गाचेर आमकां मार्गदर्शन करपा खातीर कोंकणी विभागाचे मुखेली डॉ. गुणाजी देसाय तशेंच सहाय्यक प्रध्यापक शिवानी वेरेंकर आनी गोरक शिरसाट आसात. कोंकणी विभाग वर्सान वर्स साबार कार्यावळी घडोवन हाडटा देखीक, शणै गोंयबाब जयंती, विश्व कोंकणी दीस, सृजनोत्सव आदी. त्या कार्यावळींत वांटेकार जावन, आपल्यो कला मुखार येवन सादर करप खूब गरजेचें. कारण तातुंतल्यानूच तुमची एक प्रतीमा निर्माण जातली. तुमी कितल्योय चुको केल्यार वा कितलीय मंद वेगान लेगीत प्रगती केल्यार तुमी अजूनय यत्न करीनाशिल्ल्या सगळ्या विद्यार्थ्यां परस खूब फुडें आसात. हया आनी फुडल्या दोन वर्सा खातीर तुमकां सगळ्यांक यश आंवडेतां. तशेंच कोंकणीच्या दर एका कार्यावळींत वांटेकार जायात, कार्यावळी घडोवन हाडटात आनी कोंकणी विभागाचें नांव वयर काडात अशें हांव तुमचें कडेन मागता.



**श्रीया पालयेकर**
**तिसरें वर्स कला**

पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागांत हांव लुईजा डिसोझा तुमकां येवकारतां. पयले सुवातेर तुमच्या जिवितांतलें हें म्हत्वाचें पावल मरलां तें पळोवन हांव तुमकां परबीं दिवंक सोदतां. तुमी हो मार्ग वेंचून काडला जो तुमच्या फुडाराक आकार दितलो आनी तुमी कसलें जिवीत जगतले तें थारायतलो. शिक्षणीक मार्गाचेर आमकां मार्गदर्शन करपाखातीर आमच्या कोंकणी विभागाचे मुखेली डॉ. गुणाजी देसाय तशेंच सहाय्यक प्राध्यापक शिवानी वेरेंकर आनी गोरक शिरसाट आसात. शिक्षणा वांगडा हेर गजालींचें गिन्यान आसप खूब म्हत्वाचें. कोंकणी विभाग साबार कार्यावळी घडोवन हाडटा. तशेंच पिकी पिकी काजुलें हें न्यूज लेटर प्रकाशीत करता. म्हजो तुमकां एक ल्हानसो संदेश म्हणल्यार सदांच तुमच्या ध्येयाचेर लक्ष दवरात आनी एकाग्रतायेन तुमचें सपन पुराय करपाक वावरात. तशेंच हया महाविद्यालयांत आसतना तुमकां तुमची कला सादर करपाक जी संद मेळटा ती केन्ना सोडनाकात. कारण म्हणल्यार जो विद्यार्थी विभागान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींनी भाग घेता ताकाच कितें तरी नवें शिकपाक मेळटा आनी ताची सगल्या आंगांनी उदरगत जावंक मदत जाता.



**लुईजा डिसोझा**
**तिसरें वर्स कला**

**<u>संपादक मंडळ:</u>**

**संकलन - शिवानी श्रिहरी वेरेंकर**

**मार्गदर्शक – गुणाजी सदानंद देसाय**

**<u>भितरल्या पानार</u> -**

**1. पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांक येवकार**

**2. कोंकणी विभागांतल्या 2024-25 वर्साच्या विद्यार्थ्यांची वळख**

**3. खिणचित्रां**

# कोंकणी विभागांतल्या 2024-25 वर्साच्या विद्यार्थ्यांची वळख



**म्हजें नांव प्रिन्सी आजावेदो.** हांव मुरीडा फातोर्डा मडगांव गोंयांत रावतां. हांवें म्हजें पयली ते धावी मेरेनचें शिक्षण आवर लेडी ऑफ रोजरी फातोर्डा ह्या विद्यालयांत घेतला. फुडें इकरावी आनी बारावी हांवें मल्टिपर्पज उच्च माध्यमीक विद्यालयांत पूर्ण केल्या. फुडाराक म्हाका एक बरी शिक्षिका जावपाक जाय म्हणून हा◌ंव फुडलें शिक्षण घेवपाक पार्वातीबाई चौगुले महाविद्यालयांत आयलां. ह्या महाविद्यालयाचें हांवें बरें नांव आयकलां म्हणून हा◌ंव आशा दवरता की हांव हांगा जायतें गिन्यान मेळयतलें.



**म्हजें नांव शर्वरी पर्सेकर**. हांव विरभाट कुडतर◌े रावतां. म्हजें आवयचें नांव सुरेखा पर्सेकर आनी बापायचें नांव प्रेम◌ानंद पार्सेकर. हांवें म्हजें मुळावी ते माध्यम◌ीक मेरेनचें शिक्षण सेंट रीटा हायस्कूल मायणा कुडतरे हांगां सावन घेतला. उपरांत उच्च माध्यम◌ीक शिक्षण मल्टिपर्पज बोर्डा, मडगांव हा◌ंगा सावन घेतला.

म्हजें फुडलें शिक्षण हांव पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयांत घेता कारण हांगा खूब वेगवेगळे विशय आसात. हांवें कोंकणी विशय घेतला कारण म्हाका म्हजें ह्या विशयांतलें व्याकरण आनी कोंकणी लेखन सुदारपाक जाय.



**म्हजें नांव जोलीन एना पिंटो.** हांवें इंग्लीशींत मेजर आनी कोंकणींत मायनर अश्या विशयांची निवड केल्या. हांवें म्हजें मुळावें शिक्षण सेंट एन्स, दवर्ली ह्या शाळे◌ंतल्यान घेतला. उपरांत माध्यमीक शिक्षण भाटीकार मॉडेल हायस्कुलांत पुराय केलां आनी ताचें उपरांत म्हजें उच्च माध्यमीक शिक्षण सरकार◌ी मल◌्टीपर्पज उच्च माध्यमीक विद्यालयांत पुराय केलां. म्हाका स्केच काडपाक खूब आवडटा आनी हांव तालुका पातळ◌ेचेर हातोडो उडोवप (हॅमर थ्रो) आनी 3 कि. मी चलपा खातीर म्हज्या उच्च माध्यमीक शाळेचें प्रतिनिधित्व केलां. म्हाका फुडें पुलीस अधिकारी जावपाची इच्छा आसा.
विभागांतल्या शिक्षकांच्या मार्गदर्शनाखाला हांव म्हज्यो सगल्यो येवजण्यो पुराय करपाचो यत्न करतलें हाची म्हाका खात्री आसा.



**म्हजें नांव क्रिशा फेर्नांडीस.** हांव कुंमबोरडा कुडतरे ह्या गांवात रावतां. हांवें म्हजें धाव्वें मेरेनचें शिक्षण सेंन्ट झेवियर शाळेंतल्यान केलां. आनी म्हजी बारावेचें शिक्षण सेंन्ट एलेक्सांत पुर्ण केलां.
हांव ह्या महाविद्यालयांत येवपा फाटलें कारण म्हणल्यार जेन्ना हांव ल्हान आशिल्लें, म्हजी भयण ह्या महाविद्याल्यांत शिकताली आनी तेन्नाच हांवें चितलें की हांव सुद्दां व्हड जातकच ह्याच महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलें, आनी आयज म्हाका ह्या महाविद्यालयांत प्रवेश मेळ्ळा हाचो म्हाका खूब आनंद जाता.
म्हाका कोंकणी विशयांत संशोधन करुन कोंकणी विशयाची शिक्षिका जावपाक जाय.



**म्हजें नांव वेलिका प्लेसी वाझ,** म्हजे आवयचें नांव पेरपेरत्वा वाझ आनी म्हज्या बापायचें नांव जुझे पेदरू वाझ हांव आगाळी बोरदा ह्या वाठारांत रावतां.

म्हजें प्राथमिक शिकप सेंट एन्स शाळेंत जालें, ताचे उपरांत हांव अवर लेडी ओफ रोजरी माध्यमिक विद्यालय आनी मागीर सरकारी मल्टीपर्पज उच्च माध्यमीक विद्यालय◌ा◌ंत शिकलां. हांवें कोंकणी विशय घेतला कारण म्हाका कोंकणी आवडटा आनी ती भाशा शिकोवपाचीय उमेद आसा.



**म्हजें नांव स्पर्शा देसाई** म्हज्या आवयचें नांव माया प्रेमदीप देसाई आनी बापायचें नांव प्रेमदीप देसाई. हांव दोडियाल शेल्वोण, कुडचडे, गांवांत रावतां. म्हजें मुळावें शिक्षण कुडचडे, सर्वोदया एडुकेश्नल सोसायटीस, माध्यमीक विद्यालयांत जालां. तशेंच म्हजें बारावेचें शिक्षण मडगांव गवर्मेंट मल्टिपर्पज उच्च माध्यमीक विद्यालयान जालें. म्हाका कोंकणी कादंबरी, कथा वाचपाक आनी निबंद बरोवपाक आवडटा. म्हाका भुरगेंपणासावन कोंकणी भास खूब आवडटाली म्हूण हांवें कोंकणी मायनर घेवपाचें थारायलें.

# कोंकणी विभागांतल्या 2024-25 वर्साच्या विद्यार्थ्यांची वळख



**म्हजें नांव रघुवीर आनंद सावंत.** म्हज्या बापायचें नांव आनंद रघुवीर सावंत आनी आवयचें नांव शिल्पा आनंद सावंत. हांव उपासनगर सांकवाळ, वास्को रावतां.

पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेवपा फाटलें कारण म्हणल्यार हें महाविद्यालय म्हाका येसस्वी जावपाक जाय आशिल्लें गिन्यान दितलें तशेंच महाविद्यालयांत वचून म्हाका खऱ्या संवसारांतल्या परिस्थितीची वळख जावपाक मदत जातली आनी स्वतंत्र जावपाची संद मेळटली. बी. ए. ची पदवी मेळोवप हें म्हजे जिणेंतलें पयलें आनी म्हत्वाचें अशें ध्येय.



**म्हजें नांव तेजश्विनी तुकाराम गुराव.** म्हज्या आवयचें नांव रंजना गुरव आनी बापायचें नांव तुकाराम गुरव. हांव नावेली रावतां. हांवें रोजरी हायस्कुलांत पयली ते धावी मेरेनचें शिक्षण घेतलें. रोजरी उच्च माध्यमीक विद्यालयांत इकरावी आनी बारावी मेरेनचें शिक्षण घेतलें. म्हजें शिक्षक जावपाचें सपन पुराय करपाक हांवें चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतला. हावें कोंकणी विशय घेतला कारण म्हाका शिक्षक जावपाची इत्सा आसा.



**म्हजें नांव अंतरा अशोक असोलकर.** म्हज्या बापायचें नांव अशोक असोलकर आनी आवयचें नांव अक्षता अशोक असोलकर. हांव कोंकणींत मेजर आनी इंग्लीशींत मायनर करतां. हांव एक खेळाडू. हांव तायक्वोंडो खेळटां, दोन फावटी राष्ट्रीय पांवड्यार गोंयचें प्रतिनिधित्व केलां. ताचे भायर हांव फुटबॉल, व्हॉलीबॉल, बास्केटबॉल आनी हेर जायते खेळ खेळटां.

हांवें म्हजे पयली ते धावी मेरेनचें शिक्षण होली स्पिरिट इन्स्टिट्यूटांत घेतलें. उच्च माध्यमीक शिक्षण प्रेजेंटेशन कॉन्वेंटांत घेतलें. हांवें कोंकणी घेवपा फाटलें कारण म्हणल्यार म्हाका फुडाराक आय. पी. एस. ऑफीसर जावपाचें आसा.



**म्हजें नांव नेहा नामू केरकार.** हांव घोगळ हावजींग बोर्ड, मडगांव रावतां. हांवें पयली ते धाव्वी मेरेनचें शिक्षण भाटीकर मॉडेल हायस्कुलांत पूर्ण केलें आनी रोजरी उच्च माध्यमीक विद्यालयांत इकरावी आनी बारावी मेरेनचें शिक्षण पुराय केलें. ल्हानपणासावन शिक्षक जावपाचें म्हजें सपन आसा. देखून हांवें बि. ए. ची पदवी मेळोवपाखातीर पर्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतला. शिक्षक ज़ावप म्हाणजे दर नव्या पिळगेक नवें आनी बरें गिन्यान दिवप. म्हाका आमची गोंयची भास नव्या पिळगेच्या माध्यमांतल्यान मुखार व्हरपाची इच्छा आसा म्हूण हांवें कोंकणी भास शिकपाचें थारायलां. फुडलीं तीन वर्सां हांव मन लावन अभ्यास करतलें, विभीगान आयोजीत केल्या सगळ्या कार्यावळींनी वांटो घेतलें आनी यशस्वी जावपाचो यत्न करतलें.



**म्हजें नांव शॉनी आग्नेला दा गामा.** म्हज्या बापायचें नांव मार्टिन्हो झेवियर दा गामा. म्हज्या आवयचें नांव लुईझा मारिया दा गामा. हांव कुठ्ठाळे, गांवांत रावतां. हांवें म्हजी मुळावें आनी हायस्कुलाचें शिक्षण कुठ्ठाळेच्या विद्या विहार हायस्कुलांत पूर्ण केलां. हांवें म्हजें बारावेचें शिक्षण नुवेंच्या कार्मेल उच्च माध्यमीक विद्यालयांत पूर्ण केलें. पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो कारण तें एक नामनेचें महाविद्यालय. चौगुले महाविद्यालयांत पदवी मेळोवपाचें सपन म्हाका सदांच आशिल्लें. म्हाका फुडाराक पदवी मेळयल्या उपरांत बाल मानसशास्त्रांत स्पेशलायझेशन करपाचें आसा. देखून हांवें मेजर मानसशास्त्र आनी मायनर कोंकणी विशय घेतला. हें एक खाशेलें कॉंबिनेशन जावन आसा देखून म्हाका अभिमान दिसता कारण हांवें हें खाशेलें कॉबिनेशन घेतलां.

# कोंकणी विभागांतल्या 2024-25 वर्साच्या विद्यार्थ्यांची वळख



**म्हजें नांव संजना संतोष नाईक करमली.** हांव व्हडलें मोळ, काकोडा कुडचडे रावतां. म्हजे आवयचें नांव संगीता संतोष नाईक करमली आनी बापायचें नांव संतोष ज. नाईक करमली. म्हाका एक व्हडलो भाव आसा.

हांवें म्हजें प्राथमीक शिक्षण केंबरीज शाळेंतल्यान पुराय केलां. तशेंच माध्यमीक शिक्षण सर्वोदया एड्युकेशनल सोसायटी हायस्कुलांतल्यान घेतलां. उपरांत हांवें चंद्रभागा तुकोबा नाईक उच्च माध्यमिक विद्यालयांतल्यान इकरावी आनी बारावी मेरेनचें शिक्षण पुराय केलां.

ताच्या उपरांत हांवें कोंकणी विशयांत बी. ए. चें शिक्षण घेवपाचें थारयालें आनी चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो. ह्या महाविद्यालयांत वेगवेगळ्यो सर्ती आनी कार्यावळी घडोवन हाडटात जातूंतल्यान आमकां आपली कला सादर करपाची संद मेळटली तशेंच म्हायती आनी उच्च दर्जाचें शिक्षण घेवंक मेळटलें.



**म्हजें नांव मीशाली महादेव शिरोडकर.** म्हज्या बापायचें नांव महादेव शिरोडकर आनी आवयचें नांव रेशा महादेव शिरोडकर. हांवें म्हजें मुळवें शिक्षण सेंट जोसफ हायस्कूल चांदरांत घेतलें. उपरांत इकरावी आनी बारावी हांवें कार्मेल उच्च माध्यमीक विद्यालयांत पुराय केली. हांवें कोंकणी विशय घेवपा फाटलें कारण म्हणल्यार म्हाका मानसशास्त्र हो विशय मायनर मेळूंक ना आनी दुसरो पर्याय नाशिल्लो देखून हांवें कोंकणी विशय घेतलो. कोंकणींत बरोवपाक हांव मातशें फाटी पडटा पूण हांव भरपूर यत्न करून ह्या भाशेंत प्राविण्य मेळयतलें.

**पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांक कोंकणी विभागांत येवकार.**

कोंकणी विभाग हो तेजस्वी आनी सदांच कार्यशील असो विभाग, जंय तुमकां सतत वेगवेगळ्या कार्यावळींनी वांटेकार जावपाच्यो संदी मेळटल्यो. तेन्ना ह्या सगळ्या कार्यावळींनी तुमी वांटेकार जावपाक जाय, तशेंच ह्यो कार्यावळी घडोवन हाडपाक मदत करपाक जाय. जातूंतल्यान तुमचो सर्वांगीण विकास जातलो आनी कार्यावळी कश्यो घडोवन हाडप हेंवूंय तुमकां कळटलें.

कोंकणी विभाग **पिकी पिकी काजुले** नावाचें न्यूज लेटर उजवाडाक हाडटा आनी महाविद्यालय **विद्या** मॅगझीन प्रकाशीत करता. तेन्ना न्यूज लेटरांत आनी विद्या मॅगझीनांत तुमी तुमचे लेख, कविता, पुस्तक परिक्षणां हेर सारकें साहित्य बरोवन तातूंत प्रकाशीत करप गरजेचें. हेर महाविद्यालयांनी जेन्ना परिसंवाद वा कार्यशाळा घडोवन हाडटात तेन्ना थंय वचपाची तुमची तयारी आसप गरजेची. तुमच्या ह्या नव्या प्रवासाखातीर परबीं. कोंकणी विभाग आनी विभागांतले सगळे मार्गदर्शक तुमचें ध्येय पूर्ण करपाखातीर सदांच तयार आसतले हें सदांच मतींत दवरात.



**शिवानी वेरेंकार**

**सहाय्यक प्राध्यापक**

**पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांखातीर आयोजीत केलो येवकार सुवाळो.**

27 जुलय 2024 ह्या दिसा पार्वताबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांखातीर येवकार सुवाळो आयोजीत केलो. कार्यावळीची सुरवात स्वदेश आळवे हाच्या येवकार गीतान जाली. उपरांत कोंकणी विभागाच्यो पुराय वर्सभराच्यो कार्यावळी एका विडीयोच्या माध्यमांतल्यान दाखयल्यो. उपरांत विभाग मुखेली डॉ गुणाजी देसाय हांणी पिकी पिकी काजुले न्यूज लेटराचें उक्तावण केलें. कार्यवळीक दुसऱ्या आनी तिसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांनी पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांखातीर कांय खेळांचें आयोजन केलें. तुमी सगळ्यांनी एकनिश्टेन महाविद्यालयाचें तशेंच विभागाचें नांव वयर काडपाखातीर उमेदीन वावर करपाक जाय अशें विभाग मुखेली डॉ गुणाजी देसाय हांणी सांगलें. तशेंच विद्यार्थ्यांनी कार्यावळींनी वांटेकार जावपाक जावप गरजेचे अशेंय सांगलें. उपरांत सहाय्यक प्राध्यापक शिवानी वेरेंकार हांणी आपल्या उलोवपांतल्यान कोंकणी विभाग आनी विभागांत जावपी वेगवेगळ्या कार्यावळी विशीं म्हायती दिली तशेंच विद्यार्थ्यांनी ह्यो कार्यावळी घडोवपाक आपलें योगदान कशे रीतीन दिवचें हाचीय म्हायती दिली. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन दुसऱ्या वर्सांत शिकपी तनिशा फेर्नांडीस आनी तिसऱ्या वर्सांत शिकपी रीया कुडाळकर हांणी केलें. कार्यावळीक दुसऱ्या आनी तिसऱ्या वर्साची विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले.

# खीणचित्रां


पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालय (स्वायत्त)
मडगांव - गोंय
Shot on Y15
Vivo AI camera
2024.07.27 16:04




Shot on Y15
Vivo AI camera




पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालय (स्वायत्त)
मडगांव - गोंय




पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालय (स्वायत्त)
मडगांव - गोंय